**म्हायती खात्याचे अधिकारी श्री. प्रकाश नाईक हांका सेवानिवृत्ती निमतान निरोप**

ता. 1 ऑगस्ट 2024

म्हायती आनी प्रसिद्धी खात्याचे म्हायती अधिकारी श्री. प्रकाश नाईक हांका सेवानिवृत्ती निमतान खात्याच्या कर्मचाऱ्यांनी काल निरोप दिलो. श्री. प्रकाश नाईक हांणी म्हायती आनी प्रसिद्धी खात्यात म्हायती सहाय्यक, सहाय्यक म्हायती अधिकारी आनी म्हायती अधिकारी म्हूण 35 वर्सां सेवा दिली. श्री. प्रकाश नाईक हे 30 जून 1989 वर्सा म्हायती सहाय्यक म्हूण खात्याच्या सेवेत रूजू जाल्ले.

म्हायती आनी प्रसिद्धी खात्यात म्हायती सहाय्यक, सहाय्यक म्हायती अधिकारी आनी म्हायती अधिकारी म्हूण सेवा दितना तांणी नवी दिल्लीत जावपी प्रजासत्ताक दीस संचलन, आंतरराष्ट्रीय वेपार मेळावो अशा साबार कार्यक्रमांनी गोंय सरकारचे प्रतिनिधीत्व केला. तशेंच तांणी खात्यात दक्षता अधिकारी, भौशीक म्हायती अधिकारी, भौशीक गाराणी अधिकारी म्हूण काम केला. तांणी आपल्या हाताखाला काम करपी कर्मचाऱ्यांक सदाच सहकार्य आनी मदत केल्ली आसा.

ह्या वेळार उलयतना खात्याचे संचालक श्री दीपक बांदेकर हांणी श्री. प्रकाश नाईक हे पत्रकारीता आनी प्रशासकीय कामाचो दांडगो अणभव आशिल्लें एक ज्येश्ट अधिकारी आशिल्ल्याचें सांगून तांणी खात्यात विविध पदांचेर दिल्ल्या सेवेची तोखणाय केली. तशेंच तांणी श्री. नाईक हांच्य सेवाभावी कार्याचीय तोखणाय करतना तांची सेवानिवृत्तीची फुडली जीण खुशालभरीत आनी निरोगी वचू अशी परबीं दिली.

म्हायती अधिकारी श्री प्रकाश नाईक हांणी आपले मनोगत व्यक्त करतना म्हायती आनी प्रसिद्धी खातें हे सरकारच्यो येवजण्यो, धोरणां आनी कार्यक्रमांची म्हायती लोकांमेरेन पावोवपाचे म्हत्वाचे काम करता अशें सांगून तांणी खात्यातले अधिकारी आनी कर्मचाऱ्यांक कार्यक्षमपणान काम करून खात्याची प्रतिमा वाडोवपाचो सल्लो दिलो.

खात्याचे जोड संचालक श्री. गणराज मोरजकर, हेर वरिश्ट अधिकारी आनी कर्मचारी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें. सहाय्यक म्हायती अधिकारी श्री. श्याम गांवकर हांणी कार्यक्रमाचें सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/355

--------------------------------------------------------------------------------


Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.